**<u>रानांतली अळमीं तोडपाचेर निर्बंध</u>**

ता. 22 जून 2020

गोंय राज्य जैविकविविधताय मंडळान पावसात रानांतल्या रोयणींचेर उगवपी अळमीं न काडपाची लोकांकडेन मागणी केल्या. रानांत रोयणींचेर उगवपी अळमीं मोठ्या प्रमाणात तोडिल्ल्यान पर्यावरणाचो समतोल बिघडटा. आयज अनेक अळम्यांच्यो जाती नश्ट जाल्ल्यो आसात. तशेंच वाड न जाल्ली बारीक अळमीं काडिल्ल्यान फुडल्या वर्सांनी अळमीं उगवपाचे प्रमाणय कमी जायत वता. तशेंच अळम्यांचे बारीक कळे काडपाच्या प्रकाराक लागून रोयणींतल्या वाळटीच्या अळ्यांकय धोको निर्माण जाता आनी पर्यावरणाचो समतोल बिघडटा. पर्यावरणाचो समतोल बिघडिल्ल्यान माकड जोरा सारखो संसर्ग पातळपाचीय शक्यताय आसता.

खाजगी रान मालकांनीय आपल्या रानांतल्या रोयणींचेर उगवपी अळम्यांच्या जातीचो सांबाळ करपा खातीर यत्न करचे अशेंय मंडळान मागला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/325

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA